# मुख्यमंत्र्याहस्तूकीं ओल्ड गोवा-करमळी जक्शन रस्त्याच्या

# सुदारणा कामाचो बुन्यादी फातर

ता. 28 जून 2017

7 आषाढ 1939

मुख्यमंत्री श्री. मनोहर पर्रीकर हांणी सरकार आंतरराष्ट्रीय दर्जाच्यो साधन सुविधा निर्माण करपाखातीर यत्न करता म्हणपाचे सांगून विकास प्रक्रियेखातीर आनी आवश्यक साधनसुविधा जाव मागीर ते रस्ते, उदका पूरवण वा हेर आसून त्यो मजबूत करपाचे उद्दीश्ट पूर्ण करपाखातीर लोकांच्या सहकार्याची मागणी केली.

मुख्यमंत्री आयज ओल्ड गोवा हांगा राष्ट्रीय महामार्ग-4 अ चेर ओल्ड गोवा-करमळी जक्शन रस्त्याच्या सुदारणा कामाचो भौशीक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण ऊर्फ सुदीन ढवळीकर, वीजमंत्री श्री. पांडुरंग मडकईकर, आमदार आनी जीएसआयडीसीचे अध्यक्ष श्री. दिपक पाऊसकर, ईडीसीचे अध्यक्ष श्री. सिध्दार्थ कुकळ्येकर, मुख्य सचीव श्री. धर्मेंद्र शर्मा हांचे उपस्थीती बुन्यादी फातर बसयल्या उपरांत उलयताले.

फुडें उलयताना मुख्यमंत्र्यान सांगले येरादारीत सुदारणा हांडपाखातीर सबंद राज्यात बऱ्या रस्त्यांचे जाळे निर्माण करपाक सरकार कटीबद्द आशिल्ल्याचे सांगले. काय वेळार खास करून साधन सुविधांचे काम चालू आशिल्ल्या वाठारांत काय समस्या निर्माण जातात पूण लोकांनी अपघात टाळपाखातीर अशा जागांचेर येरादारीचे नेम पाळपाक जाय. देशातल्या हेर राज्यापरस गोंयात वाहनांचो आकडो 8 ते 10 पटीनी चड आसा. लोकांनी राज्याक प्रगती पथाकडेन व्हरपाखातीर सरकाराक सहकार्य करपाक जाय, अशेंय तांणी सांगले.

भौशीक बांदकाममंत्री श्री. रामकृष्ण ऊर्फ सुदीन ढवळीकर हांणी गोंय सारख्या विकसीत राज्यात रस्ते आनी येरादारी अर्थीक विकासाखातीर म्हत्वाचे योगदान दिता अशें सांगले. नव्या रस्त्याची बांदणी आनी सुदारणाक लागून अर्थ वेवस्थेच्या सगळ्या मळानी फायदो जाला, अशें सांगून भौशीक बांदकाममंत्र्यान प्रकल्पाखातीर अर्थीक मदत केल्लेखातीर केंद्रीत रस्तो, महामार्ग आनी बोट येरादारीमंत्री श्री. नितीन गडकरी तशेंच मुख्यमंत्र्याचे उपकार मानले.

रस्त्यावयल्या येरादारीत शिस्त येवपाक आनी गर्दी कमी जावपाक बऱ्यो साधनसुविधा आसपाची गरज उक्तावन श्री. ढवळीकर हांणी येणाऱ्या एका वर्साभितर नव्या स पदरी बाणस्तारी पूलाचे काम सूरू जातले, अशे सांगले. तशेंच चिंबल खाडीवयलो ओल्ड गोवा-पणजी उड्डाणपूल मार्च 2018 मेरेन पूर्ण जातलो, अशेंय तांणी सांगले.

पोरण्या गोंयच्या अंडरपास-रस्तो पुलाखातीर सुमार 40 कोटी खर्च येतलो.

वीज मंत्री श्री. पांडुरंग मडकईकर हांचेय हे वेळार उलवप जाले.

श्री. दिनेश तारे हांणी मानेस्ताक येवकार दिलो आनी निमणे उपकार मानले.

सा. बा. खाचे मुख्य अभियंता श्री. पी. सी. गुप्ता, जिल्हो पंचायत वांगडी आनी हेर कार्यक्रमाक हजर आशिल्ले.